**अनुपस्थीत मतदारांक  टपाल मतपत्रिके वरवीं मतदान करपा विशीं**
**मार्गदर्शक तत्वां**

ता. 27 मार्च 2026

फोंडे विधानसभा मतदारसंघाच्या निर्वाचन अधिकाऱ्यान कळीत केला की, अनुपस्थीत मतदार वर्गांतल्या ज्या मतदारांक टपाल मतपत्रिके वरवीं मतदान करपाची सुविधा दिल्या तांचे खातीर भारतीय वेंचणूक आयोगान  टपाल मतपत्रिके विशीं मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यां.

अनुपस्थीत मतदार वर्गांत 85 वर्सां पिराये वयले ज्येश्ठ नागरीक,  मतदार वळेरींत चिन्नांकीत दिव्यांग व्यक्तींक आनी कोविड 19 दुबावीत वा प्रभावीत व्यक्तींक  ह्या सुविधेचो लाव घेवपाक मेळटलो. अनुपस्थीत मतदार वर्गांखातीर 29 ते 30 मार्च 2026 मेरेन सकाळी 9.00 ते सांजेची 5.00 ह्या वेळेत मतदान प्रक्रिया जातली.

तशेंच अनुपस्थीत मतदार वर्गांतल्या मतदारान फॉर्म 12-डी त दिल्ल्या नाम्याचेर वेगळो मतदान पंगड भेट दितलो.

म्हा /सप/    /  विगां/ 2026/214

--

--------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.